# <u>कला आनी संस्कृती खात्याची संस्कृतीक प्रज्ञासोद सर्त</u>

गोंय सरकारच्या कला आनी संस्कृती संचालनालया वतीन दर वर्सा घेवपांत येवपी संस्कृतीक प्रज्ञासोद सर्तेची तालुको पांवड्यावेली प्राथमीक फेरी ओक्टोबर म्हयन्याच्या पयल्या आनी दुसऱ्या सप्तकांत घेवपांत येतली. हे सर्तीचें सविस्तर वेळापत्रक जाहीर जाल्लें आसून दक्षिण गोंयांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर ही सर्त ता. 4 ऑक्टोबर दिसा लॉयला विद्यालय आनी महिला नुतन विद्यालय, मडगांव जाल्यार ता. 5 आनी 6 ऑक्टोंबर 2018 दिसा राजीव गांधी कला मंदीर, फोंडें तर उत्तर गोंयांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर ता. 8 ऑक्टोंबर 2018 दिसा डॉ. के.ब. हेडगेवार विद्यालय आनी मुष्टीफंड विद्यालय, कुजीरा बांबोळे तशेंच ता. 9 आनी 10 ऑक्टोंबर 2018 दिसा संस्कृती भवन, पाटो- पणजी, इन्स्टिट्यूट मिनेझीज ब्रागांझा सभाघर, पणजी गोंय हांगा घेवपांत येतल्यो.

शाळांतल्या विद्यार्थ्यांच्या कला गुणांक चालना आनी माची दिवपाच्या उद्देशान दर वर्सा ह्या सर्तीचें आयोजन कला आनी संस्कृती संचालनालयावतीन करतात. पुरातन संस्कृतीचें दायज लाभिल्ल्या गोमंत कला संस्कृतिची बियां शाळकरी विद्यार्थ्यांमदीं रुजून येवची तशेंच कलेची ही परंपरा मुखार व्हरपाक तांणीय रस घेवचो हो त्या फाटलो मुखेल हेत जावन आसा. राज्यांतल्या अनुदानीत आनी बीन अनुदानीत शासकीय तशेंच खाजगी शाळांतल्या यत्ता पाचवी ते धावेचे विद्यार्थी हे सर्तींत वांटेकार जातले. भारतीय शास्त्रीय संगीत, तबला एकल वादन, संवादिनी एकल वादन, सुगम संगीत, सितार, पाश्यात्य गायन, पॉप गीत गायन, कातारा गायन, ड्रम, किबोर्ड, गिटार, व्हायोलीन, कथ्थक, भरतनाट्यम, एकपात्री अभिनय, निबंध आनी कविता लेखन (कोंकणी, मराठी, इंग्लिश आनी हिंदी भाशेंतल्यान), चित्रकला, हस्तलेखन आदीं साबार कला प्रकारांचेर आदारीत सर्ती संस्कृती प्रज्ञासोद सर्ती अंतर्गत घेतले. तालुको पातळीचेर सर्तींतल्या पयल्या तीन जैतिवंतांक राज्य पांवड्यार सर्तींत वांटेकार .

धारबांदोडे, काणकोण, केपें, साश्ट, मुरगांव आनी सांगे ह्या दक्षिण गोंयांतल्या ह्या सगळया तालुक्यांतल्या शाळां खातीरची सर्त राजीव गांधी कला मंदीर, फोंडें गोंय तशेंच लॉयला विद्यालय आनी महिला नुतन विद्यालय मडगांव गोंय हांगा जातली. ता. 4 ऑक्टोंबर 2018: लॉयला विद्यालय आनी महिला नुतन विद्यालय मडगांव- कविता लेखन (कोंकणी, मराठी, इंग्लीश आनी हिंदी), आनी चित्रकला. महिला नुतन विद्यालय, मडगांव गोंय निबंध लेखन (कोंकणी, मराठी, इंग्लीश आनी हिंदी), देवनागरी आनी इंग्लीश हस्तलेखन (ता-

धारबांदोडें, काणकोण, केंपें साश्ट मुरगांव आनी सांगे). हे सर्तींत वांटो घेतल्या सर्तकांनी ता. 4 ऑक्टोंबर 2018 दिसा दनपारां 2.30 वरांचेर लॉयला विद्यालय, मडगांव गोंय हांगा आपल्या शाळेच्या वळखपत्रा सयत उपस्थीत रावचे.

ता. 5 ऑक्टोंबर 2018: राजीव गांधी कला मंदीर फोंडे हांगा सांगे, केपें आनी काणकोण तालुक्यां खातीर- भारतीय शास्त्रीय संगीत, तबला एकल वादन, संवादिनी एकल वादन, सुगम संगीत, क्लासिकल पीस –पाश्चात्य गायन, पॉप गीत गायन, कातारा गायन, ड्रम, किबोर्ड, गितार, व्हायोलीन, कथ्थक, भरतनाट्यम, एकपात्री अभिनय. हे सर्तींत वांटो घेवपी सर्तकांनी आपले शाळेच्या वळखपत्रा सयत ता. 5 ऑक्टोंबर दिसा सकाळी 8.30 वरांचेर हाजीर रावचें.

ता. 6 ऑक्टोंबर 2018: राजीव गांधी कला मंदीर फोंडें गोंय हांगा— भारतीय शास्त्रीय संगीत, तबला एकल वादन, संवादिनी एकल वादन, सुगम संगीत, क्लासिकल पीस –पाश्चात्य गायन, पॉप गीत गायन, कातारा गायन, ड्रम, किबोर्ड, गितार, व्हायोलीन, कथ्थक, भरतनाट्यम, एकपात्री अभिनय (ता-साश्ट, मुरगांव आनी धारबांदोडा) ही सर्त कंसांत दिल्ल्या तालुक्या खातीर जातली. हे सर्तींत वांटो घेवपी सर्तकांनी आपले शाळेच्या वळखपत्रा सयत ता. दिसा सकाळी 8.30 वरांचेर हाजीर रावचें.

सितार एकल वादन सर्तींत वांटो घेतिल्ल्या विद्यार्थ्यांनी 6 ऑक्टोंबर दिसा राजीव गांधी कलामंदीर, फोंडें गोंय हांगा आपले शाळेच्या वळखपत्रा सयत सकाळी 8.30 वरांचेर हाजीर रावचें.

पेडणें, बार्देस, दिवचल, सत्तरी, तिसवाडी आनी फोंडें ह्या उत्तर गोंयांतल्या सगळया तालुक्यांतल्या शाळेच्यो सर्ती संस्कृती भवन, पाटो पणजी, इन्स्टिट्यूट मिनेझीज ब्रागांझा सभाघर, पणजी गोंय आनी डॉ. के.ब. हेडगेवार विद्यालय आनी मुष्टीफंड विद्यालय, कुजीरा बांबोळे हांगा घेवपांत येतल्यो.

ता. 8 ऑक्टोंबर 2018: डॉ. के.ब. हेडगेवार विद्यालय आनी मुष्टीफंड विद्यालय, कुजीरा बांबोळे- निबंध आनी कविता लेखन (कोंकणी, मराठी, इंग्लीश आनी हिंदी भाशेंतल्यान), आनी विद्यालय, कुजीरा बांबोळे, गोंय हांगा चित्रकला, देवनागरी आनी इंग्लीश हस्तलेखन ( ता- पेडणे, बार्दे, दिवचल, सत्तरी, तिसवाडी आनी फोंडें). ह्या सर्तींत वांटो घेतिल्लया सर्तकांनी ता. 8 ऑक्टोंबर 2018 दिसा दनपारां 2.30 वरांचेर डॉ. के.ब. हेडगेवार

विद्यालय आनी मुष्टीफंड विद्यालय, कुजीरा बांबोळे हांगा आपले शाळेच्या वळखपत्रा सयत हाजीर रावचें.

ता. 9 ऑक्टोंबर 2018: संस्कृती भवन पाटो पणजे, इन्स्टिट्यूट मिनेझीज ब्रागांझा सभाघर, पणजे हांगा तिसवाडी, बार्देस आनी पेडणें तालुक्यां खातीर भारतीय शास्त्रीय संगीत तबला एकल वादन, संवादिनी एकल वादन, सुगम संगीत, क्लासिकल पीस –पाश्चात्य गायन, पॉप गीत गायन, कातारा गायन, ड्रम, किबोर्ड, गितार, व्हायोलीन, कथ्थक, भरतनाट्यम, एकपात्री अभिनय. तशेंच कथ्थक, भरनाट्यम, एकपात्री अभिनया खातीरची सर्त इन्स्टिट्यूट मिनेझीज ब्रागांझा सभाघर, पणजी गोंय हांगा घेवपांत येतली हाची संबंदीतांनी उपकार करुन नोंद घेवची. हे सर्तींत वांटो घेवपी सर्तकांनी आपले शाळेच्या वळखपत्रा सयत ता. 9 ऑक्टोंबर 2018 दिसा सकाळी 8.30 वरांचेर हाजीर रावचें.

ता. 10 ऑक्टोंबर 2018: संस्कृती भवन पाटो पणजे, इन्स्टिट्यूट मिनेझीज ब्रागांझा सभाघर, पणजे हांगा फोंडें, दिवचल आनी सत्तरी तालुक्यां खातीरची भारतीय शास्त्रीय संगीत तबला एकल वादन, संवादिनी एकल वादन, सुगम संगीत, क्लासिकल पीस –पाश्चात्य गायन, पॉप गीत गायन, कातारा गायन, ड्रम, किबोर्ड, गितार, व्हायोलीन, कथ्थक, भरतनाट्यम, एकपात्री अभिनय. तशेंच कथ्थक, भरनाट्यम, एकपात्री अभिनया खातीरची सर्त इन्स्टिट्यूट मिनेझीज ब्रागांझा सभाघर, पणजी गोंय हांगा घेवपांत येतली हाची संबंदीतांनी उपकार करुन नोंद घेवची. हे सर्तींत वांटो घेवपी सर्तकांनी आपले शाळेच्या वळखपत्रा सयत ता. 10 ऑक्टोंबर 2018 दिसा सकाळी 8.30 वरांचेर हाजीर रावचें.

सितार एकल वादन सर्तींत वांटो घेतिल्ल्या सर्तकांनी 10 ऑक्टोंबर 2018 दिसा संस्कृती भवन पाटो पणजे हांगा आपले शाळेच्या वळखपत्रा सयत ता. 10 ऑक्टोंबर 2018 दिसा सकाळी 8.30 वरांचेर हाजीर रावचें.

**मा/वाप/टीएसएस/विगां/अगा/सुना/2018/ 1606**